**प्रादेशिक खबरो**

**28.03.2025 7.25 am**

**गणेश 80**

**शालांत मंडळान फेब्रुवारी महिन्यात घेतील्या बारावी परीक्षेचो निकाल 90.64 टक्के लागला. भुरग्यांचो निकाल 88.69 टक्के जाल्यार चलयांचो निकाल 92.42 टक्के लागला. शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हाणी पत्रकार परिशदेत निकाल जाहीर केलो. कला, वाणिज्य, विज्ञान आनी वेवसायिक या 4 शाखानी मेळुन 17 हजार सशे स्याशी विद्यार्थी परीक्षेक बशील्ले. हे पयकी 16030 विद्यार्थी उत्तीर्ण जाले. फाटले वर्साच्या तुळेत निकाल 5 टक्के चड लागला. 10 फेब्रुवारी ते 1 मार्च मेरेन 20 परीक्षा केंद्रानी परीक्षा जाल्ली. गोवा शालांत मंडळाच्या वेबसायटीचेर निकाल उपलब्ध आसा.**

सुशांत 100

**गोंयचे मुख्यमंत्री आनी अर्थमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हे खेपे उत्कृश्ट अर्थसंकल्प सादर केला अशी प्रतिक्रिया पर्यावरण आनी कायदो मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी मडगांव हांगा जाल्ले पत्रकार परिशदेंत म्हळे**

**सिक्वेरा लोकांच्या अडचणी आयकून घेवपाखातीर जिल्होधिकारी कार्यालयात आयिल्ले त्यावेळार पत्रकारांकडेन उलयतना तांणी अर्थसंकल्पाक येवकार दिलो . ह्या अर्थसंकल्पांत समाजांतल्या सगळ्या वर्गांचो आस्पाव केला आनी ह्या वर्गांक फायदेशीर अश्यो तजवीजो केल्यात. मुख्यमंत्र्यानी ह्या अर्थसंकल्पांत सगल्या क्षेत्रांक फावो तो न्याय दिवपाचो यत्न केला अशें तांणी सांगलें. विरोधी वांगड्यांच्या मतदार**

गणेश

गुन्यावकारी घडणुकांचेर नियंत्रण दवरपाच्या हेतान भाडेकरूंच्या पडताळणी उपरांत आता कामगारांची पडताळणी सुरू जातली. कामगार खात्याकडेन म्हायती घेवन ते प्रमाण भाड्याक रावपी कामगारांची पडताळणी मोहीम सुरू जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. हेर राज्यांच्या तुळेत गोंय हे पर्यटक तशेच बायलां खातीर सगळ्यांत सुरक्षीत राज्य आसा. चोरयो तशेच गुन्यावकारी घडणुकांत बरेच खेपो भाडेकरूंचो हात आसता. भाडेकरूंची म्हायती आसप तपासा खातीर पूरक थारता. हाका लागून भाडेकरू पडताळणी मोहीम कायदो करून सुरू जाल्या. जे कामगार वा मजुर उद्येगीक वसणुको तशेच हेर उद्देगांत काम करतात, तांची पडताळणी आता सुरू जातली. कामगार खात्या कडल्यान म्हायती घेवन तांची भाडेकरू म्हूण पोलिसांक म्हायती दिल्या काय? हाची शहानिशा जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.अंदूचो अर्थसंकल्प क्लीन गोवा आनी ग्रीन गोवा या संकल्पनेचेर आधारीत आसा. पोलिस सगळ्याक भोवत आसता. तांची सगळीकडेन नदर आसता. क्लीन गोवा आनी ग्रीन गोवा खातीर पोलिसांच्या सहकार्याची गरज आसा. कोणूय कोयर उडयता आसत जाल्यार पुलिसांनी कारवाय करपाक जाय. आपल्या कार्यकक्षेत कोयर उ डोवपाची घडणूक ये ना, अशें समजोन आडनदर करची न्हय, अशें आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केले.

महेश 70

गोंय येरादारी पुलीस कर्मचाऱ्यां खातीर दोन चाकी स्कुटर, बीडीडीएसा खातीर वाहना आनी डॉग स्क्वाडा  खातीर गाडयो दिवपाचे कार्यावळीत डीजीपी आलोक कुमार हाणी  गोंय पुलीस अधिकाऱ्यांच्या हाजिरेंत पा चवो बावटो दाखयलो. आधुनीक मुळावी बांदावळ आनी उपकरणां दिवन राज्य पुलीस आनी सुरक्षा एजन्सी घटमूट करपाक गोंय सरकार कटिबद्ध आसा.हया नव्या जोडणींक लागून गोंय पुलीस आपलीं कर्तव्यां करपाक आनी राज्याची प्रभावी सेवा करपाची तांक वाडायतले असो म्हाका विस्वास आसा आशे  मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणी म्हळे

खेल 30

काल जॉर्डनांतल्या अम्मानांत जाल्ल्या सिनियर आशियाई कुस्ती सर्तीच्या तिसऱ्या दिसा भारतान एक रुप्या आनी दोन कांस्य पदकां मेळयलीं. भारतीय बायलां कुस्तीगीरांनी प्रभावी कामगिरी केली, रितिकान रुप्या पदक मेळयलें, जाल्यार मुस्कान आनी मानसी लाथेर हांणी दरेकीं कांस्य पदक मेळयलें.

तापमान 35

पणजीत नोंद जाल्ले तापमान कमाल 34.6 किमान 23 डिग्री सेलसीयस हवेतली आर्द्रता 87 % आशीली हवामान सुके आसतले आनी तापमान 34 ते 35 डिगरी सेलसीयस आसू येता आणि सकाळी काय प्रमाणात धुके पातळू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला

सुशांत 60

तळेबांद-आके, मडगाव हांगाच्या श्रीसाईबाबा मंदिरातल्या मूर्ती प्रतिश्ठापना रुप्या उत्सवाक सुरुवात जाल्या. याच उत्सवाचो एक वांटो म्हूण मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांच्या उपस्थितीत नव्या सिंहासनाचे उक्तावण जाले. ह्यावेळार उद्योजक प्रकाश कोठारी हे उपस्थित आशिल्ले. ह्या उत्सवाचो मुखेल सुवाळो १ एप्रिला सावन सुरु जावपाचो आसा. हो उत्सव ७ एप्रिलमेरेन चालू उरतलो. ह्यावेळार वेगवेगळ्या सांस्कृतिक आणि धार्मिक कार्यावळी सादर जातल्यो अशी म्हायती दिगंबर कामत हांणी दिली.